# गोंयांक 'स्वयम' कडल्यान 'मोस्ट अॅक्सेसिबिलिटी स्टेट' पुरस्कार

ता. 10 नोव्हेंबर 2025

भारतातली नामनेची अॅक्सेसिबिलिटी ऑर्गनायझेशन 'स्वयम' ह्या संस्थेन गोंयांक 'मोस्ट अॅक्सेसिबिलिटी स्टेट' पुरस्कार भेटोवन सन्मानित केले.

अॅक्सेसिबिलिटी संस्था 'स्वयम' हांणी युनेस्को आनी सीआयआय फाउंडेशनच्या सहकार्यान अॅक्सेसिबिलिटी क्षेत्रातल्या तांच्या 25 व्या वर्सांच्या सेवेनिमतान दिल्लीत अशा तरेच्या पयल्या राष्ट्रीय अॅक्सेसिबिलिटी शिखर परिशदेचे आयोजन केल्ले.

ह्या परिशदेचे खाशेलपण म्हळ्यार धोरणकर्ते, वेवसायिक आनी संबंदीत क्षेत्रातले तज्ञ एकटाय येवन देशाच्या अर्थीक विकासाक खास करून खेळ, पर्यटन, येरादारी आनी आयसीटी क्षेत्राक गती दिवपाच्या सुलभतायेच्या भूमिकेचेर चर्चा केली.

ह्या कार्यक्रमात दिव्यांग व्यक्तींक सक्षम करपा खातीर आनी कमी गतिशीलता आशिल्ल्या व्यक्तींक सुलभ साधनसुविधा निर्माण करपाक योगदान दिवपी नामनेच्या संस्थांक स्वयंम पुरस्कार प्रदान केले. संस्थेन आता मेरेन अनेक संस्थांक पुरस्कार भेटयल्यात, पुण एखाद्या राज्याक सुलभता पुरस्कारान सन्मानित करपाची ही पयलीच वेळ आसा.

कमी गतिशीलता आशिल्ल्या व्यक्तींखातीर समावेशक धोरण तयार करपी राज्य सरकारांक मान्यताय दिवपाच्या ह्या पयल्याच प्रयत्नात स्वयंमच्यो संस्थापक अध्यक्षा आनी जिंदाल एसएडब्ल्यूच्या एमडी आनी जिंदाल समुहाच्यो अध्यक्षा श्रीमती सावित्री जिंदाल हांणी गोंयाक सुलभतायेच्या मळार केल्ल्या अनुकरणीय कार्याखातीर हो पुरस्कार प्रदान केला.

गोंय सरकारच्या वतीन समाज कल्याण मंत्री श्री. सुभाष फळदेसाय आनी मुख्यमंत्र्यांचे एपीएस श्री. मनोज पाटील हांणी हो पुरस्कार स्वीकारलो.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी श्रीमती जिंदाल हांका सुलभतायेच्या क्षेत्रात केल्ल्या वावरा खातीर अभिनंदन करपी व्हिडिओ संदेश धाडला आनी गोंयची जनता आनी पर्यटकां खातीर खेळ आनी पर्यटन क्षेत्रातल्यो पायाभूत सुविधा सुलभ करपा खातीर गोंय सरकारा वतीन करपात येवपी प्रयत्नांविशीं म्हायती दिली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/864

--

---


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.